22nd August 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहार आनी अस्तंत बंगालात, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- भारताची पयली मानव निर्मित अंतराळ मोहीम - गगनयानाची, अंदूं डिसेंबरांत, पयली उड्डाण चांचणी करतले, अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी सांगले.

- वेचणूक आयोगान आगामी उपराष्ट्रपती वेचणुके खातीर, दोन निरीक्षकांची नियुक्ती केल्या.

- खेलो इंडिया वॉटर स्पोर्ट्स महोत्सवात, 17 वर्सां पिरायेच्या थळाव्या, शिकारा चलोवपी मोहसीन अली हांणी, पयलें भांगरा पदक जिखलें.

पीएम - 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहार आनी अस्तंत बंगालात, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री बिहारांत सकाळीं सुमार 11 वरांचेर, गया हांगा, सुमार 13 हजार कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. तशेंच ते दोन रेल्वे गाडयांक बावटो दाखोवन, संबोधीत करतले. ते उपरांत, गंगा न्हंयचेर आंता - सिमरिया पुल प्रकल्पाचें उक्तावण करतले. ताकालागून पाटणाच्या मोकामा आनी बेगूसराय हांचे मदीं, थेट संपर्क जातलो. नव्या पुलाक लागून उत्तर बिहार आनी दक्षिण बिहार हांचे मदीं प्रवास करपी वाहनां खातीर, 100 किमी परस चड प्रवासाचें, हें अतिरिक्त अंतर उणें जातलें. अस्तंत बंगालांत प्रधानमंत्री, कोलकातांतल्या नव्यान बांदिल्ल्या विभाग मेट्रो रेल्वे सेवेक बावटो दाखयतलें. उपरांत, कोलकातांत 5 हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण करतले. तशेंच ह्या निमतान ते मेळाव्यांक संबोधित करतले.

ISRO - 110

भारताची पयली मानव निर्मित अंतराळ मोहीम - गगनयान, अंदूं डिसेंबरांत पयली चांचणी उड्डाण करतली, अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हानी सांगले. नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना नारायणन हांणी सांगलें, कि गगनयनाची प्रगती बरी आसा आनी आतां मेरेन 80 टक्के चांचण्यो म्हळ्यार सुमार 7 हजार 700 चांचण्यो जाल्यात. उरिल्लीं 2 हजार 300 चांचण्यो फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन पुराय जातल्यो. इसरोच्या हेर कामगिरीचेर भर दितना नारायणन हांणी सांगलें की, अंदूं आतां मेरेन ग्लेक्स-2025 सयत 196 कृती साध्य जाल्यात. अमेरिकेचो 6 हजार 500 किलो वजनाचो संचारण उपग्रह, भारतीय प्रक्षेपण पॅडा वयल्यान प्रक्षेपीत करतले, असो उल्लेख तांणी केला. तांणी फुडें सांगलें, की ह्या वर्सा आदित्य एल 1 कडल्यान, १३ टेराबिट डेटा वैज्ञानिक समुदायाक दिल्लो आसा.

EC President Election - 90

वेचणूक आयोगान आगामी उपराष्ट्रपती वेचणुके खातीर, दोन निरीक्षकांची नियुक्ती केल्या. पंचायती राज मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचिव सुशील कुमार लोहानी आणि वित्त मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचिव डी. आनंदन हांची, निरीक्षक म्हणून नियुक्ती केल्या. उपराष्ट्रपती वेचणूक फुडल्या महिन्याच्या ९ तारखेक जातली. जगदीप धनखड हाणी फाटल्या महिन्यात, भलायकेच्या कारणान राजीनामो दिल्यान, ही वेचणूक आवश्यक जाल्या. ही १७वी

उपराष्ट्रपती वेचणूक आसा. उपराष्ट्रपतीची निवड लोकसभा आणि राज्यसभेच्या सदस्यांच्या, निवड मंडळा वरवी करतात. एनडीएन उपराष्ट्रपती पदाचे उमेदवार म्हणून, सी.पी. राधाकृष्णन हांची निवड केल्या तर विरोधी गटान उपराष्ट्रपतीपदाच्या वेचणुके खातीर, सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश बी सुदर्शन रेड्डी हांका उमेदवारी दिल्या.

मोदी - 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन, हांचेकडे फोनावेल्यान संवाद साधलो. प्रधानमंत्री कार्यालयान दिल्या निवेदनात, दोनुय फुडाऱ्यांनी युक्रेन आणि पश्चिम आशिया प्रदेशातल्या संघर्षांचे, शांततापूर्ण निराकरण करपाक सुरू आशिल्या प्रयत्नांचेर, विचार विनिमय केलो. दोनूय फुडार्यांनी व्यापार, संरक्षण, नागरी अणु सहकार्य, तंत्रज्ञान आणि ऊर्जा या क्षेत्रांसयत, द्विपक्षीय सहकार्य अजेंडातल्या प्रगतीचोय आढावो घेतला. राष्ट्रध्यक्ष मॅक्रॉन हाणी, भारत आणि युरोपियन युनियना मधल्या, मुक्त व्यापार कबलातीच्या निष्कर्षाखातीर तेको दर्शयलो.

अश्विनी - 40

रेल्वे मंत्री वैष्णव हाणी, दिवाळी आणि छठ पूजेनिमित्त बिहारात १२,००० खासा गाडयो चलतल्यो, अशी घोषणा केल्या. आगामी परबेखातीर रेल्वे व्यवस्थेचो नियाळ घेवपाक दिल्लीत, बिहारच्या एनडीए फुडार्यांकडेन चर्चा केल्या उपरांत, तांणी ही घोषणा केली.

Jaishankar - 50

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी रशियेतल्या प्रमुख विद्वान आणि थिंक टँक प्रतिनिधींकडे संवाद साधलो. ह्या बसके वेळार ताणी भारत-रशिया संबंध, समकालीन जागतिक भू-राजनीती आणि भारताचो दृष्टिकोन हाचेर चर्चा केली.

डॉ. जयशंकर भारत-रशिया व्यापार, आर्थिक, वैज्ञानिक, तंत्रज्ञान आणि सांस्कृतिक सहकार्यावेल्या, आंतर-सरकारी आयोगाच्या २६व्या सत्राचे सह-अध्यक्ष पद लेगीत सामाळटले.

Sansad - 70

बिहारातल्या मतदार वळेरीच्या, विशेष सघन सुधारणासयत वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर विरोधी पक्षांनी नेटान निदर्शना केल्या उपरांत, काल लोकसभा दनपार १२ मेरेन तर राज्यसभा २ मेरेन स्थगित केली. लोकसभेचे कामकाज सकाळी ११क सुरू झाले, तेन्ना विरोधी पक्षांनी ह्या मुद्द्यार चर्चा करपाची मागणी करत निदर्शना सुरू केली. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी प्रश्नोत्तराचे वर सुरू केले. पुण विरोधकांच्या गदारोळाक लागुन कामकाज, दनपार १२ मेरेन स्थगित केले.

Kiren Rijiju Loksabha Rajyasabha – 160

फाटल्या महिन्याच्या २१ तारखेक सुरू जाल्ले, संसदेचे पावसाळी अधिवेशन सोपले. अधिवेशन फलदायी थारला, अशे केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी म्हणले. लोकसभा आणि राज्यसभा काल, अनिश्चित काळा खातीर स्थगित

केल्या. नवी दिल्लीतले अधिवेशन सोपले उपरांत, संसद भवनात माध्यमांक माहिती दितना केंद्रीय संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी म्हणले की, संसदेचे पावसाळी अधिवेशन देशा खातीर आणि सरकारा खातीर अत्यंत फलदायी आशिल्ले. पुण, खुपशा नवीन खासदारांक संसदेत उलोवपाक दिले ना आणि या खातीर विरोधी पक्ष जबाबदार आसा, अशी टीका तांणी विरोधकांचेर केली. आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकाक भेट दिवपी पयले भारतीय ग्रुप कॅप्टन, शुभांशू शुक्ला हांचे अभिनंदन करपाक, विरोधकांनी सदस्यांक परवानगी दिली ना, याबद्दल मंत्र्यांनी नाराजी उक्त्यायली. निषेध करप वा असहमत जावप हो आपले विचार व्यक्त करपाचो लोकशाही मार्ग आसा, पुण संसदेत सरकाराक काम करपा पासून रोखप, हे लोकशाहीविरोधी आसा, अशे रिजीजु हाणी सांगले. पावसाळी अधिवेशनात लोकसभेची उत्पादकता ३१ टक्के आशिल्ली आणि राज्यसभेत ती ३९ टक्के आशिल्ली. अधिवेशना वेळार लोकसभेत १४ विधेयका सादर केली. लोकसभेन १२ आणि राज्यसभेन १५ विधेयका मंजूर केली. संसदेन एकूण १५ विधेयका मंजूर केली.

पुरी - 100

पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्री हरदीप पुरी हाणी सांगले, की पेट्रोलियम उत्पादनांक शाश्वत पर्याय म्हणून जैव इंधनांक प्रोत्साहन दिवपाक, सरकारान बरी प्रगती केल्या. काल लोकसभेत एका लेखी जापेत मंत्री पुरी हाणी म्हणले की, जैव इंधनाच्या वापराक प्रोत्साहन दिवपाक, राष्ट्रीय जैवइंधन धोरण राबयला. सरकार इथेनॉल मिश्रित पेट्रोल, ईबीपी कार्यक्रमांतर्गत, पेट्रोलात इथेनॉल मिश्रणाक प्रोत्साहन दिता. जाची कितलीशीच उद्दिष्ट आसात. मंत्र्यान म्हणले की, ईबीपी कार्यावळीक लागुन, शेतकऱ्यांक इथेनॉल पुरवण वर्ष २०१४-१५ पासून या वर्सा जुलै मेरेन १ लाख २५ हजार कोटीं परस चड रक्कम, जलद गतीन मेळल्या. तशेच १ लाख ४४ हजार कोटींपरस चड, परकीय चलनाची बचत जाल्या.

मांडविया - 90

युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी देशभरातल्या नागरिकांक, २९ ऑगस्टाक जावपी राष्ट्रीय खेळा दिसानिमित्त, एक वर, तंदुरुस्ती आणि खेळा खातीर समर्पित करपाचे आवाहन केले. हो दिस हॉकीचे दिग्गज मेजर ध्यानचंद हांच्या जयंतीनिमतान मनयतात. युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्रालयान जाहीर केले, की फिट इंडिया मिशन आणि भारतीय खेळा परिसंस्था, या वर्सा या उत्सवाचे नेतृत्व करतले. एकत्रितपणान २९ ते ३१ ऑगस्ट मजगती, तीन दिस पुराय भारतभर खेळा चळवळ आयोजित केल्या.३१ ऑगस्टक देशभरातले नागरिक सायकलीचेर फिट इंडियात सहभागी जातले. पर्यावरणपूरक सवयींक प्रोत्साहन दिवपाक, 'फिट इंडिया एप' कार्बन बचत प्रोत्साहन घटकाचे, लाँच करतले.

खेलो इंडिया - 60

पयलेच खेपे खेलो इंडिया वॉटर स्पोर्ट्स महोत्सव, जम्मू आनी काश्मीरांतल्या श्रीनगरांत सुरू जाला. काल 17 वर्सां पिरायेच्या थळाव्या शिकारा चलोवपी मोहसीन अली हांणी पयलें भांगरा पदक जिखलें. दल तळ्याचेर शिकरां व्हरपी, मोहसीनान दादल्यांच्या 1000 मीटर कायाकींग सर्तीत, ओडिशा आनी मध्य प्रदेशांतल्या सर्तकांचेर मात करून, चार मिनटां, बारा point चार एक सेकंद, अशा वेळान जैत मेळयलें.

हवामान - 90

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत राजस्थान, गंगेटोक, अस्तंत बंगाल, गुजरात, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम, त्रिपुरा, ओडिशा, उत्तराखंड आनी मध्य प्रदेशात काय सुवातानी, पावस पडपाचो

अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण, आयज अस्तंत बंगाल, कोंकण आनी गोंय, ओडिशा आनी सौराष्ट्र तशेच कच्छ वाठारांत, खर वारें व्हावपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहार आनी अस्तंत बंगालात, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- भारताची पयली मानव निर्मित अंतराळ मोहीम - गगनयानाची, अंदूं डिसेंबरांत, पयली उड्डाण चांचणी करतले, अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी सांगले.

- वेचणूक आयोगान आगामी उपराष्ट्रपती वेचणुके खातीर, दोन निरीक्षकांची नियुक्ती केल्या.

- खेलो इंडिया वॉटर स्पोर्ट्स महोत्सवात, 17 वर्सां पिरायेच्या थळाव्या, शिकारा चलोवपी मोहसीन अली हांणी, पयलें भांगरा पदक जिखलें.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार